Modi 90
२१ व्या शतकाच्यो गरजो पूराय करपाक सरकार देशाच्या शिक्षण व्यवस्थेचे आधुनिकीकरण करता अशे प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणला. केंद्र सरकार देशातल्या प्रत्येक विद्यार्थ्याच्या आवाक्यात जागतिक दर्जाचे गिज्ञानहाडता अशे ताणी सांगले. आज नवी दिल्लीत भारत मंडपमात सरकार, शैक्षणिक संस्था, उद्योग आणि नव उत्पादकांच्या फुडाऱ्यांच्या YUGM कॉन्क्लेव्हात ते उलयताले. देशाचे भविष्य ताच्या तरुणाट्यांचेर अवलंबून आसता म्हणूनच तांका भारताच्या उज्ज्वल फुडारा खातीर तयार करप अत्यंत महत्त्वाचे आसा हाचेर ताणी उजवाड घालो. नवीन शिक्षण धोरण देशात परिवर्तन घडोवन हाडता अशे प्रधान मंत्रयान नमूद केले. प्रतिभा, स्वभाव आणि तंत्रज्ञान ही त्रिमूर्ती भारतचो फुडार बदलतलो अशे ताणी म्हणले

Jaishankar 40
परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस जयशंकर हाणी आज ग्रीक परराष्ट्र मंत्री जॉर्ज गेरापेट्रिटिस हांचे वांगडा पहलगाम दहशतवादी हल्ल्याविशी चर्चा केली. डॉ. एस जयशंकर हाणी .म्हणले की, सीमापार दहशतवादा आड ग्रीसची कडक भूमिका कौतुकास्पद आसा. दोनुय देशांची धोरणात्मक भागीदारी आपल्या संबंधांची खोली दर्शयता अशे ताणी म्हळे.

पहलगाम 180
पहलगाम दहशतवादी हल्ल्याच्या वक्तव्या वेल्यान भाजपान काँग्रेसचेर टीका केली. पुलवामा दहशतवादी हल्ल्यार संसदेचे विशेष अधिवेशन आपोवपाची मागणी करपी काँग्रेसीचेर भाजपान टीका केली. पक्षाचे प्रवक्ते शहजाद पूनावाला हांणी नवी दिल्लीत प्रसार माध्यमांक सांगले की, काँग्रेसीचे प्रमुख मल्लिकार्जुन खरगे हाणी दहशतवादी हल्ल्याचेर काँग्रेसीयो सामूहिक थाराव किते ते पयली सांगचे. सर्वपक्षीय बसकेत ताणी म्हणले की, काँग्रेस म्हणता ते सरकारा वांगडा आसात आणि कठोर कारवाई जावुक जाय, तर कर्नाटकचे मुख्यमंत्री सिद्धरामय्या हाणी पाकिस्तानाआड कसलीच कारवाय जावची न्हय अशे ताणी नमूद केले. ताणी मुखार आरोप केला की काय काँग्रेस फुडाऱ्यांनी पाकिस्ता वेल्यान भारताचेर दोष धुकलपाचो प्रयत्न केला. भाजपचे आणीक एक प्रवक्ते प्रदीप भंडारी हाणी काँग्रेसर पाकिस्तान कडच्यान आदेश घेतल्याचो आरोप केला. ताणी म्हणला की, प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या नेतृत्वा खाला भारत पाकिस्तान मधल्या दहशतवादाच्या सूत्रधारांक योग्य जाप दितले काँग्रेसीन त्यांच्या सोशल मीडिया हँडलर प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीं क लक्ष्य करत शेअर केल्या एका फोटोर भाजपान तीव्र प्रतिक्रिया उक्तायल्या आज नवी दिल्लीत माध्यमांक माहिती दितना पक्षाचे प्रवक्ते गौरव भाटिया हाणी आरोप केला की पहलगाम दहशतवादी हल्ल्या उपरांतच्या या महत्त्वाच्या काळात काँग्रेस अशा पोस्टवरवी देशाक कमकुवत करपायो

प्रयत्न करता भाटिया हाणी आरोप केला की काँग्रेस पाकिस्तानाक संदेश दिता की ते इस्लामाबादा वांगडा आसा.

हवामान 60

भारतीय  हवामान खात्यान फुडल्या 2 दिसांत नैऋत्य राजस्थान आनी अस्तंत हिमालयाच्या वाठारांत उश्णतायेच्या ल्हारांचो अदमास काडला. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण 1 मे सावन राष्ट्रीय राजधानी सयत देशाच्या वायव्य भागांतल्या मळां वयल्यान हळुवार पावस, गडगड आनी धुल्ल वादळ येव येता .आकाशवाणी कडे उलयतना आयएमडीचे वरिश्ठ शास्त्रज्ञ डॉ आर. के. जेनामानी  हाणी सांगले फुडल्या 2 - 3 दिसांत ओडिशा, गंगीय पश्चिम बंगाल आणि झारखंडत  मध्यम ते तीव्र वादळाचा नारिंगी शिटकावणी दिल्या

स्पोर्ट्स 70

बँकॉकांत जाल्ल्या पात्रताय सर्तीच्या सुपर राउंड टप्प्यांत थायलंडाक 6-5 अशी हार घालून भारतीय बायलांच्या बेसबॉल पंगडान आशियाई कप 2025 खातीर पात्रताय मेळयली. आयपीएल टी-20 क्रिकेटांत काल रातीं जयपूरच्या सवाई मानसिंह स्टेडियमाचेर वैभव सूर्यवंशीच्या इतिहासीक शतक आनी यशस्वी जयसवालाच्या अपराजित 70 धांवड्यांनी राजस्थान रॉयल्सान  गुजरात टायटन्साचेर आठ विकेटींनी जैत मेळयलें. 38 बॉलांनी 101 धांवड्यो करपी वैभव सूर्यवंशीक मॅन ऑफ द मॅच म्हूण जाहीर केलो. सूर्यवंशी 101 धांवड्यो काडून  सर्तीच्या इतिहासांतलो सगळ्यांत तरणाटो शतक मारपी थारलो.

डेस्क 140

स्वातंत्र्य दिस सुवाळो, २०२५चो एक भाग म्हणून, तरुण आणि जनतेमदी देशभक्तीची भावना निर्माण करपाक संरक्षण मंत्रालय १ ते १५ मे २०२५ मजगती MyGov.in च्या जोडपालवान “ज्ञानपथावेल्या रचनेची रचने खातीर सर्त आयोजित करता. सहभागींनी २०२५ च्या स्वातंत्र्य दिस सुवाळ्यात दिल्लीत लाल किल्ल्याचेर ज्ञानपथ डिझाइन (एनसीसी कॅडेट्स/एनएसएस स्वयंसेवक/शालेय भुरग्यांनी तयार केल्या रचनेसयत) डिझाइन/रेखाचित्रा काढची. फाटल्या ३ वर्षांच्या स्वातंत्र्य दिस सुवाळ्यातले ज्ञानपथ डिझाइन संदर्भा खातीर दिल्यात. पयल्या तीन प्रवेशिकांक प्रत्येकी १०,०००/- रुपयांची तीन रोख बक्षिसा आसातपयल्या २५० सहभागींक एका साथीदारासयत  लाल किल्लो, दिल्लीत २०२५ च्या स्वातंत्र्यदिससुवाळ्यात वाटेकार जावपाक ई-दीक्षा दितले

(ii) स्पर्धेतल्या सहभागींक MyGov वरवी ऑनलाइन जनरेट केले सहभाग प्रमाणपत्र दितले

अटी अशो

(a)स्पर्धेत सहभागी जावपीभारतीय नागरिक आसुक जाय.

(b) एक व्यक्ती फक्त एकदाच सहभागी जावुक शकता

(c) पयल्या ०३ सहभागींक प्रत्येकी १०,०००/- रुपयांचे रोख बक्षिस दितले

(ड) दिल्लीत लाल किल्ल्यार स्वातंत्र्यदिस सुवाळो-२०२५ पळोवपाक २५० सहभागींक एका सोबत्यासयत ई-निमंत्रण जारी करतले

Joshi 65

केंद्रीय नवीन आणि नवीकरणीय ऊर्जा मंत्री प्रल्हाद जोशी हाणी म्हणला की, ग्रीन हायड्रोजन हे फुडारातले इंधन आसा आणि ताणी सूक्ष्म, लघु आणि मध्यम उद्योगांक ग्रीन हायड्रोजनच्या उत्पादनात तंत्रज्ञान विकासा खातीर सहकार्य करपाचे आवाहन केले . आज नवी दिल्लीत एमएसएमई खातीर राष्ट्रीय ग्रीन हायड्रोजन मिशन संधींवेल्या कार्यशाळेचे उक्तावण करताना जोशी हाणी म्हणले की, एमएसएमईत उत्पादन, अभियांत्रिकी आणि भारताक अक्षय ऊर्जेकडे सक्षम करपी नवीन तांत्रिक कल्पनां खातीर महत्त्वपूर्ण फाटबळाची ताकद आसा.

केंद्रीय नवीन आणि नवीकरणीय ऊर्जा मंत्री प्रल्हाद जोशी हाणी म्हणला की, ग्रीन हायड्रोजन हे फुडारातले इंधन आसा आणि ताणी सूक्ष्म, लघु आणि मध्यम उद्योगांक ग्रीन हायड्रोजनच्या उत्पादनात तंत्रज्ञान विकासा खातीर सहकार्य करपाचे आवाहन केले . आज नवी दिल्लीत एमएसएमई खातीर राष्ट्रीय ग्रीन हायड्रोजन मिशन संधींवेल्या कार्यशाळेचे उक्तावण करताना जोशी हाणी म्हणले की, एमएसएमईत उत्पादन, अभियांत्रिकी आणि भारताक अक्षय ऊर्जेकडे सक्षम करपी नवीन तांत्रिक कल्पनां खातीर महत्त्वपूर्ण फाटबळाची ताकद आसा. या कार्यक्रमात, मंत्र्यांनी भारताची ग्रीन हायड्रोजन प्रमाणन योजना लेगीन सुरू केली. ताणी म्हणले, ही प्रमाणपत्र योजना देशात ग्रीन हायड्रोजनाचे उत्पादन सुनिश्चित करतलेल,.भारतान जपाना वांगडा चार लाख १२ हजार टन ग्रीन हायड्रोजन डेरिव्हेटिव्हजा खातीर कबलात केल्या अशे ते उलयले. प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या नेतृत्वा खाला मंत्रालय २०३० मेरेन पाच दशलक्ष टनांमेरेन वाडोवपाचे उद्दिष्ट दवर ता अशे ताणी सांगले